३०-०८-२०२५ सकाळी - ७.२५

Prez 75

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी काल नवी दिल्लीत भौशीक क्षेत्रातल्या उपक्रमांक २०२२-२३ चा स्कोप एमिनन्स पुरस्कार प्रदान केलो. या मेळाव्यात उलयताना राष्ट्रपती मुर्मू हाणी म्हळे, स्वातंत्र्यापासून भौशीक क्षेत्रातले उपक्रम आर्थिक विकास आणि सामाजिक समावेशनाचे एक शक्तिशाली साधन जाला. ताणी म्हणले की, भौशीक क्षेत्रातल्या उपक्रमांनी औद्योगिकीकरण, मुळाव्यो सुविधा विकास, सामाजिक वाड आणि संतुलित प्रादेशिक विकासाची बुन्यादुय घाल्या. केंद्रीय अर्थ राज्यमंत्री पंकज चौधरी हाणी म्हणले की, भौशीक क्षेत्रातले उपक्रम राष्ट्र उभारणीत महत्त्वाचे योगदान दिन आणि जागतिक स्तराचेरय छाप सोडटा

आनंद उपाध्ये- 55

गोंयात देड दिसांच्या गणपतीचे विसर्जन जाले. आता 5, ७ ,9 11 आणि 21 दिसांचे गणपती उरल्यात . राज्यांत चवथीचो उत्सव मनोवप चालू आसतानाच हो उत्सव चडान चड पर्यावरण पूरक करपाक आता गोंयकार मुखार सरल्यात. केरी - फोणेंचे आनंद उपाध्ये फाटली तीन वर्सा पर्यावरण पूरक सजावट करतात. ओंदू तांनी देवीच्या पारंपारीक रथाची प्रतिकृती तयार केल्या.हे विशी उपाध्ये हाणी सांगले

गोवा कोंकणी अकादेमीन वित्तीय वर्सा 2025-2026 खातीर वेगवेगळी येवजण जाहीर करून इत्सूक लेखक/प्रकाशकांकद्च्यान अर्ज मागयल्यात. हे येवजणे खातीर लेखी अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीक 26/08/2025 आशिल्ली, जी आतां 12/09/2025 मेरेन वाडयल्या. येवजण्यो अशो आसात. पयली चंवर येवजण-(लेखकाच्या पयल्या पुस्तकाच्या प्रकाशना खातीर 75% अर्थीक मजत), साहित्य प्रभा येवजण- (पुस्तक प्रकाशना खातीर 70% अर्थीक मजत), प्रतिभा सम्मान येवजण- (प्रकाशन सहाय- प्रकाशका कडल्यान पुस्तकां खरेदी खातीर )बाल साहित्य प्रकाशन - (पुस्तक प्रकाशना खातीर 70% अर्थीक मजत), कोंकणी नाटक - मांड येवजण - (पुस्तक प्रकाशना खातीर 75% अर्थीक मजत), लोकवेद पुस्तक प्रकाशन येवजण - (लोकवेद पुस्तकां उजवाडाक हाडपा खातीर 70% अर्थीक मजत) आनी

शैक्षणिक साहित्य प्रकाशन येवजण - (शैक्षणीक पुस्तकां प्रकाशीत करपा खातीर 70% अर्थीक मजत), लिप्यंतरीत पुस्तकांचें प्रकाशन (60% अर्थीक मजत), अणकारीत पुस्तक प्रकाशना खातीर 70% अर्थीक मजत, क्लॅरिसा वाझ ई मोरेनास संशोधन शिष्यवृत्ती खाशेली पुस्तक प्रकाशन येवजण, संगीत साहित्य पुस्तक प्रकाशन येवजण, दुर्मिळ साहित्य पुनर्प्रकाशन, लोकवेद पुस्तक प्रकाशन, अणकारीत पुस्तक प्रकाशन, लिप्यंतरण पुस्तक प्रकाशन, शैक्षणिक साहित्य प्रकाशन येवजण आनी वैचिक पुस्तक प्रकाशन आनी बाल साहित्य प्रकाशन अशो ह्यो येवजनयो आसात.

हे येवजणे खातीर अर्ज अकादेमीच्या कार्यालयांत, गोवा संचार भवन, बीएसएनएल इमारत, 5 व्या माळ्यार, पाटो, पणजी-गोंय हांगा उपलब्ध आसात अशें अकादेमीन जाहीर केलां.

मंगळूर हांगाचे नामनेचे संगीतकार आनी कोंकणी साहित्यीक एरिक ओझारियो हांकां काल दनपरां मंगळूर हांगा मरण आयलें. तांची पिराय ७६ वर्सां आशिल्ली. भलायकेच्या कारणाखातीर तांकां मंगळूर हांगाच्या हॉस्पिटलात दाखल केल्ले. थंयच तांचेर उपचार चालू आसताना काल दनपरां ते संवसाराक अंतरले.ओजारिओ हांणी कोंकणी संगीतांत म्हत्वाचें योगदान दिला आसून मंगळूरांत मांड-सोभाण नांवाची संस्था स्थापन करुन आनी तातूंतल्यान राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार कार्यावळी सादर केल्ल्यो. कानडी कोकणी लिपीच्या साहित्याक साहित्य अकादेमीकडल्यान मान्यताय मेळची हे खातीर तांणी चळवळ केल्ली. तांच्या फाटल्यान घरकान्न जॉयस फान्तीस, धूव डॉ. रश्मी किरण आनी पूत रितेश किरण असो घराबो आसा.

ओजारिओ हांणी कोंकणी चळवळीच्या प्रचारांत व्हड वावर केल्लो. १९९४ वर्सा मंगळूरांत जाल्ल्या पयल्या संवसारीक कोंकणी संमेलनाचे ते वांटो आसलें. तांच्या वावराखातीर कोंकणी कला सम्राट, कोंकणी रत्न, कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकादमी पुरस्कार अशे जायते पुरस्कार मेळ्ळ्यात. गोंयांतल्या कोंकणी कार्यकर्त्यांकडेनय ओझारियोचे लागींचे संबंद आशिल्ले. ते संवसाराक अंतरल्यान वेगवेगळ्या स्तरांतल्यान तांकां आर्गां ओपल्यात.

भारतीय हवामान खात्यान फुडले ६ दिस उदेंत राजस्थान आनी उत्तराखंडातल्या काय सुवातींनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच कर्नाटक, केरळ, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाड्यातूय,घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

बिहारातल्या राजगीरात चलतल्या आशिया कप सर्तीत भारतीय हॉकी पंगडान चीनाचेर जैत मेळोवन आपल्या खेळा मोहिमेची सुरुवात केली. कर्णधार हरमनप्रीत सिंगच्या हॅटट्रिकच्या बळार भारतान पूल अ तल्या खेळात चीनाक ४ आड ३ अशें हारयले. भारताचो फुडलो खेळ फाल्या आयतारा दनपारा ३क जपान आड जातलो.